Panaji Regional 11th April 2025 7.25am

रश्मि 105

गोंयच्या शाळांनी आनी म्हाविद्यालयानी उद्देगीक सुरक्षिततायेचे प्रशीक्षण दीवपी skill on wheels हो विशय चालीक लायला.हाचे खातीर सरकारान 2 कोटी रूपयाची ह्या अर्थसंकल्पात तजवीज केला.गोंयच्या तरणाट्यांक ह्या विशयाचो उद्देगीक मळार काम करतना फायदो जातलो अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

गोय राज्याचे पयले occupational safety and health expo and summit चे उक्तावण आयज ताळगांव श्यामा प्रसाद मुर्खजी सभाघरात मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी जाले.ह्यावेळार कारखानो आनी बाश्पक खात्याचे मंत्री निळकंठ हळर्णकार, संजीत रोड्रीगीस, संचालक अनंत पांगम तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले. 10-12 एप्रील ह्या काळात चलपी ह्या कार्यावळीत उद्देग मळार सुरक्षिततायेच्या नदरेतल्यान कीते उपाययेवजण करप,ते खातीर लागपी आधुनीक माखना,नवे तंत्रज्ञान,तशेंच ह्या मळावेल्या तज्ञांची मार्गदर्शन सत्रा जातली.

रश्मि 75

लघु उद्योग भारती गोंय फाटो आनी पेडणेची संत सोहीरोबानाथ अंबीये म्हाविद्यालयामदी आयज 4 नवे अभ्यासक्रम शिकोवपाखातीर कबलात जाल्या.Bachelor of business administration (BBA), Bachelor of science in biotechnology, bachelor of science in psychology, in sports and bachelor of science in excersice science हे नवे अभ्यासक्रम ह्या म्हाविद्यिलयात उपलब्ध जातले. 11april सांवन गोय शिक्षण संचालनालयाच्या e- samarth portal website चेर ह्या अभ्यासक्रमाखातीर अर्ज स्वीकारतले,जाल्यार ह्या अभ्यासक्रमावीशी चड म्हायती संबंधीत portal चेर उपलब्ध आसा अशे शिक्षण संचालनालयान कळीत केला.

संतोष 90

वास्को शारां भितर पे पार्कींग करपाक राज्य सरकाराची मान्यताय मेळिल्ल्यान पार्कींग फी घेवपाक आता सुरवात करतले अशी म्हायती मुरगावचे  नगराध्यक्ष गिरीश बोरकार हाणी  दिल्या. मुरगांव पालिका मंडळाच्या कांय म्हयन्यां फाटी जाल्ले बसकेंत वास्को शारां भितर पे पार्किंग सुविधा लागू करपाचें थारावन ते खातीर शारांतल्यो चार सुवातो वेचून काडिल्ल्यो. पालिकेन उपरान्त हो प्रस्ताव मान्यताये खातीर सरकाराकडे धाडून दिल्लो. आयज वेचून काडिल्ल्या सुवातेंचेर लायनी मारपाचें मारपाचें काम पुराय केला.

किटला - 90

केपे हांंगा सुमार 3 लाख चौकण मीटर जाग्याचेर ओएनजीसीचे परीशद घर तशेच प्रशीक्षण केंंद जातले. सर्वे नंंबरासयत हो जागो आयपीबी कायद्याखाला गुंंतवणूक वाठार म्हूण अधिसूचीत जाला.
ओएनजीसीच्या प्रशिक्षण केंंद्राक आयपीबीन मान्यताय दिल्ली. हो वाठार गुंतवणूक वाठार म्हूण जाहीर करपाविशी सरकारान हरकती मागिल्ल्यो. हरकतींंचा विचार केल्या उपरांंत सरकारान गुंंतवणूक वाठाराची अधिसूचोवणी जारी केल्या. हाका लागून परवाने तशेच शुल्क घेवपाविशीचे अधिकार केपे पालिकेक आसचे ना. परवान्याचे सगळे अधिकार आयपीबीच्या मुखेल कार्यकारी अधिकाऱ्यांंक आसतलेंं. कायद्याखाला इमारतीक परवाने दिवपा खातीर नियोजन, उदरगत आनी बांंदकाम समिती स्थापन करची पडटली. ही समिती शुल्क तशेच परवान्याविशी निर्णय घेतली.

बोंंडला झू बंंद  - 100

बोंडलातल्या जनावरांची दोतोरांमार्फत दर दिसा तपासणी सुरू आसा. तपासणी तशेच जनावरांच्या कातीचे काय नमुने भोपाळतल्या  प्रयोगशाळेक धाडटले. दुयेस पातूळपी विषाणूविशी नेगेटीव्ह अहवाल आयले उपरांत प्राणीसंग्रहालय उक्ते जातले. ताचे पयली उक्ते जावचे ना, अशी म्हायती राना खात्याच्या अधिकाऱ्यांंनी  दिली.

संसर्गजन्य दुयेसाक लागून ३ काटांदर (सीवेट कॅट) आनी २ रान मांजराक (वाईल्ड कॅट)क मरण आयिल्ल्यान बोंडला (प्राणीसंग्रहालय) लोकां खातीर बंद दवरलां. 1 एप्रीलसावन प्राणीसंग्रहालय बंद आसा. दुयेसाची लागण जावची न्हय म्हूण राना खात्यान हे पावल उखल्ला. जनावरांचे दोतोर आनी राना खात्याचे अधिकारी दर दिसा परिस्थितीचो नियाळ घेत आसा. जनावरांची तपासणी जावपा सयत वखदांची फवारणी तशेच जनावरांकूय वखदा दिवप सुरू आसा.

तापमान 30

गोय वेधशाळेन उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण आज गोयांत कमाल तापमान 35 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाल्यार किमान २६ डिग्री सेल्सिअस इतले आसतले. फुडले ७ दीस चडांत चड तापमान ३५-३६ सेल्सिअसच्या मजगति आसपाची शक्यता आसा.

---

IPL - 55

आयपीएल टी-20 क्रिकेट सर्तींत काल रातीं बेंगळुरूत एम.चिन्नास्वामी स्टेडियमांत जाल्ल्या खेळांत दिल्ली कॅपिटल्सान रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरूक 6 विकेटींनी हारयलो. 164 धांवड्यांच्या लक्ष्यचो फाटलाव करपी कॅपिटल्सान 17.5 ओव्हरींनी 4 बाद 169 धांवड्यो केल्यो. आयज चेन्नयच्या एम.ए.चिदंबरम स्टेडियमांत चेन्नय सुपर किंग्स आनी कोलकाता नाइट रायडर्स हांचे मदीं खेळ जातलो. सांजवेळा 7:30 वरांचेर ही मॅच सुरू जावपाची आसा.

---

रश्मि - 35

तीसरे Goa cashew Fest 25-27 april क पणजे दयानंद बांदोडकार मैदानाचेर जातले अशी म्हायती रान म्हामंडळाची अध्यक्ष देवीया राणे हीणे दील्या.तशेंच गोंयच्या काजुच्या बीयेक हया म्हयन्याभीतर GI tag मेळपाचो आसा अशीय म्हायती ताणी दील्या.